**सैम आनी मनशाचो एकमेकांकडेन संबंद आसा-श्री. पिल्लई**

ता. 17 मे 2023

सैम आनी मनशाचो एकमेकांकडेन संबंद आसा, अशें गोंयचे राज्यपाल श्री.श्रीधरन पिल्लई हांणी आयज आपली घरकान्न श्रीमती रिता एस पिल्लई हांच्या वांगडा चोडणां जुंव्याक दिल्ल्या भेटी वेळार उलयताना सांगलें. राज्यपालान डॉ. सलीम अली पक्षी अभयारण्याक दिल्ल्या भेटीविशीं खुशालकाय व्यक्त करतना सरकाराचो रानां विभाग सैमाचो सांबाळ करपा खातीर सगळें तरेचे प्रयत्न करता, अशें सांगलें.

राजभवन हेरिटेज ट्रीज ऑफ गोवा, वामनवृक्ष कला उद्यान" गोंयची जुंवी ह्या तीन पुस्तकांचे रोखडेच प्रकाशन करतले, अशी म्हायतीय राज्यपालांन ह्या वेळार दिली. गोंय हे पर्यटन केंद्र आशिल्ल्यान अशां पुस्तकांतल्यान पर्यटकांक गोंयच्याविशीं चड म्हायती उपलब्ध जातली.

राज्यपालांच्या भेटी वेळार उपस्थित आशिल्लें मयेचे आमदार श्री प्रेमेंद्र शेट हांणी मये वाठाराचो हिंटरलॅण्ड पर्यटन थळ म्हूण विकास करतले, अशें सांगलें.

राज्यपालांन बोटीत बसून मांडवी न्हंये देगेच्या खारफुटीतल्यान भोंवडी करून सैमाचो आनंद घेतलो. उपरांत राज्यपालांन चोडणांच्या श्री देवकीकृष्ण भूमिका मल्लिनाथ देवस्थानाक भेट दिवन श्रीचो आशीर्वाद घेतलो. राज्यपालान चोडणाच्या सेंट बार्थोलोम्यू चर्च आनी क्राइस्ट रे क्रॉसाकय भेट दिली.

राज्यपालांचे सचीव एम. आर.एम. राव, आदले सचीव मिहिर वर्धन, आनंद जाधव आनी हेर अधिकारी ह्या भेटीवेळार उपस्थित आशिल्लें.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/418

--

------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.